**मुख्यमंत्र्याकडल्यान  गोंयच्या लोकांक गोंय मुक्ती दिसाची परबीं**

ता. 18 डिसेंबर  2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी  गोंयच्या लोकांक गोंय मुक्ती दिसाची उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या. मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, आमच्या स्वातंत्र सैनिकांनी केल्ले अथक प्रयत्न आनी त्यागाक लागून 19 डिसेंबर 1961 वर्सा आमका पोर्तुगीजांच्या 450 वर्सांच्या परकीय राजवटीपासून स्वातंत्र्य मेळ्ळें. आमच्या स्वातंत्र सैनिकांनी केल्ल्या त्यागाक लागून आयज आमी शांतीकायेन आनी अभिमानान आपली जीण जगतात. गोंय मुक्ती दिसाच्या आयच्या ह्या इतिहासीक  प्रसंगार आमी आमच्या म्हान स्वातंत्र्य सैनिकांक अभिवादन करूया.

मुक्ती उपरांत गोंय राज्यान साधनसुविधा, शिक्षण, भलायकी, समाज कल्याण, कुशळटाय विकास आनी हेर विकासाच्या मळार तोखणाय करपा सारखी उदरगत केल्या. आमच्या फुडाऱ्यांनी लोककल्याणकारी येवजणो आनी प्रकल्पांची अंमलबजावणी करून राज्याच्या उदरगतीक योगदान दिला. गोंय मुक्ती दिसाच्या आयच्या ह्या प्रसंगार आमी “आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय” ह्या उपक्रमा वरवीं गोंय राज्याक उदरगतीच्या नव्या तेंगशेर व्हरपाक कटीबद्द जावया.

आमी आमच्या मदले मतभेद कुशीक दवरून गोंय राज्याच्या फुडल्या उदरगती खातीर एकवटान प्रयत्न करूया. तशेंच गोंय राज्याची सोबीतकाय सांबाळून दवरपाचो संकल्प करूया. हांव परत एकदा प्रत्येकांक गोंय मुक्ती दिसाची परबीं दिता, अशें मुख्यमंत्री संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/794

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji